## SECTION – II
## विभाग – II

**Note :** This section contains **three (3)** questions from each of the electives/specializations. The candidate has to choose only **one** elective/specialization and answer all the **three** questions from it. Each question carries **fifteen** (**15**) marks and is to be answered in about **three hundred** (**300**) words. **(3 × 15 = 45 marks)**

**सुचोवणी :** ह्या विभागांत दर एका ऐच्छिक उप-विभागाअंतर्गत **तीन** (3) प्रस्न आसात. तांतलो खंयचोय एक उप-विभाग वेंचून काडून तांतूतल्याच **तीनय** (3) प्रस्नांच्यो जापो बरोंवच्यो. दर एका प्रस्नाक **पंदरा** (15) गुण दवरल्यात. दर एका प्रस्नाची जाप सुमार **तिनशीं** (300) उतरांनी बरोंवची. **(3 × 15 = 45 गुण)**

### **Elective** – I / ऐच्छिक – I

3. गोंयांत पुर्तगेजांआदी लोकांच्या वोंठार कोंकणी भास घोळटाली व्हय ? देखीसयत तुमचे विचार उगतायात.

4. सोळाव्या शेंकड्यातल्या कोंकणी रामायण आनी महाभारताच्यो विशेशतायो बरयात.

5. गोंयातली १६व्या शेंकड्याआदली कोंकणी भास खंयच्या खाशेलपणान घोळटाली ?

OR / वा

### **Elective** – II / ऐच्छिक – II

3. 'वनवाळ्यांचो मळो' ह्या ग्रंथाच्यो विशेशतायो भाशेच्या नदरेंतल्यान स्पश्ट करात.

4. सतराव्या शेंकड्यातल्या कोंकणी शब्दकोशांची मोलावणी करात.

5. 'सांत आंतोनीची अचर्यां' ह्या ग्रंथाची वळख आनी समीक्षात्मक नियाळ करात.

OR / वा

### **Elective** – III / ऐच्छिक – III

3. जीण (चरित्र) ह्या साहित्यप्रकाराच्यो विशेशतायो सांगून कोंकणीतल्या खंयच्याय एका जीणेचेर उजवाड घालात.

4. अर्विल्ल्या कोंकणी-साहित्यांतल्या मुखेल भोंवडेवर्णनकारांची म्हायती बरोवन तांच्या खंयच्याय एका कृतीची समीक्षा करात.

5. 20 व्या शेंकड्यातल्या शब्दकोशांनी कोंकणी भाशेक गिरेस्तकाय आनी बळगें दिवपाचें कार्य कशेरीतीन केलां ?

## SECTION – III

## विभाग – III

**Note :** This section contains **nine (9)** questions of **ten (10)** marks, each to be answered in about **fifty (50)** words. **(9 × 10 = 90 marks)**

**सुचोवणी :** ह्या विभागांत **धा-धा** (10-10) गुणांचे **णव** (9) प्रस्न आसात. दर एका प्रस्नाची जाप सुमार **पन्नास** (50) उतरांनी बरोंवची. **(9 × 10 = 90 गुण)**

6. नाटक ह्या साहित्यप्रकाराची व्याख्या सांगून 'देमांद' ह्या नाटकांतल्या संवादांचें म्हत्त्व आनी विशेशतायो थोडे भितर बरयात.

